

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ५ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ आतां फुडलें आख्यान । बाबा शिरडींतल्यान गुप्त जावन । आयले परत चांदपाटला सांगातान । ताचें कथन आयकात ॥१॥ स्वता बाबांनी ओंपून जीण । कशी केली बाग निर्माण । गंगागीर आदी संतसंमेलन । कथानिर्धार पावन तें ॥२॥ मुखार कांय काळा मेरेन । बाबा जाल्ले गुप्त शिरडींतल्यान । मुसलमानांचे एके वरातींतल्यान । मेळ्ळें रत्न हें परत शिरडींत ॥३॥ ताचे आदींच देविदास । आसले राबित्याक शिरडींत । फुडें आयले जानकीदास । गोसावी शिरडींत रावपाक ॥४॥ तो कसो घडलो प्रकार । सांगतां आतां सविस्तर । श्रोत्यांनो दवरून परम आदर । कथानक तें आयकात ॥५॥ औरंगाबाद जिल्ल्यांत । थंयच्या धूप खेड्यांत । रावपी मुसलमान भाग्यवंत । चांदपाटील नांव जांचें ॥६॥ गेल्ले आसतना औरंगाबादेंत । शेणलो तांचो घोडो अचकीत । सोदलो तरीय यत्नांनी अनंत । मेळून मेळ्ळोना कसोच ॥७॥ पाटील पुराय निरशेले । मेळना म्हूण हळहळ्ळे । तशेच परतेचे वाटेक लागले । मारून [1]खोगीर फाटीर ॥७॥ औरंगाबाद फाटीं पडलें । साडेचार कोस मुखार आयले । वाटेर आंब्याचें झाड मेळ्ळें । दिसलें मुळांत रत्न हें ॥९॥ माथ्याक तोपी झगो घालून । खांकेक सटको तंबाखू मुड्डून । केली तयारी चिलीम भरून । घडलें अजाप थंयसर एक ॥१०॥ चांदपाटील वताले रस्त्यान । फकिरान तांकां हाडले आपोवन । म्हणलें यो रे, वच

१. घोड्याचे फाटीर घालतात तें वस्त्र.

चिलीम ओडून । बसून सांगातान आपल्या ॥११॥ ‘खोगीर हें कसलें’ विचारलें फकिरान । ‘घोडो शेणला’ सांगलें पाटलान । म्हणलें ‘सोद वचून व्हाळाचे देगेन । मेळटलो घोडो रोखडोच’ ॥१२॥ पाटील भोव अजापलो । मनांत म्हणलें देव पावलो । हो चमत्कारी कोण आसतलो । पावलो वेळार देव कसो ॥१३॥ खरोच ताचो घोडो मेळ्ळो । घेवन ताका तो थंय आयलो । फकिरान ताका कुशीक बसयलो । धरलो चिमटो हातांत ॥१४॥ तसोच तो जमनीर मारलो । भितरल्यान इंगळो एक काडलो । हातांतले चिलमीचेर दवरलो । घेतलो सटको उखलून ॥१५॥ मागीर [१]छापी भिजोवपा खातीर । उदक नासलें लागसार । सटको आपटिलो जमनीर । उदक लागलें येवपाक ॥१६॥ छापी भिजोवन पिळ्ळी । चिलमी भोंवतणीं गुठलायली । आपणें ओडली ताकाय दिली । मातसो घुंवळ्ळो पाटील ॥१७॥ पाटील आगरोच करपाक लागलो । घरा आपल्या आपोवंक लागलो । म्हाराजांनी ताका अनुग्रह केलो । लिला अशी दाखोवन ॥१८॥ दुसऱ्या दिसा गांवांत पावले । पाटलाच्या घरांत गेले । कांय दीस थंयच रावले । उपरांत परतले शिरडीक ॥१९॥ हो चांदपाटील कारबारी । धूप खेड्याचो अधिकारी । ताचे घरकान्नीच्या भाच्याक बरी । जुळ्ळी सोयरीक शिरडींत ॥२०॥ चांदभाईचे घरकान्नीचो । आंकवार आसलो एक भाचो । सुयोग ताचे कडेन लग्नाचो । आयलो शिरडीचे एके चलयेचो ॥२१॥ गाडयो घोडे घेवन सांगाताक । वचूंक लागली वरात शिरडीक । मागीर त्या चांदभाईच्या वांगडाक । आयले बाबाय शिरडींत ॥२२॥ लग्न जालें गेली वरात । बाबा मात उरले शिरडींत । उरले तेय जालें रास्त । भाग्य फळफळ्ळें शिरडीचें ॥२३॥ साई अविनाश पुरातन । न्हय हिंदू न्हय मुसलमान । ना जात पात कूळ पसून । स्वरूप आत्मज्ञान जाणात ॥२४॥ लोक जें ‘‘साईं साईं’’ म्हणटात । नांव

१. चिलमीक बांदपाचें लुगट.

कशें पडलें तें सांगतां आयकात । ''येयात साईं'' असो पुजाऱ्यान देवळांत । आदरान उलो मारलो तांकां ॥२५॥ देवळा लागीं खंडोबाच्या । बाबा आंगणांत म्हाळसापतींच्या । आयले सांगातान वरातीच्या । तेन्नाच पडलें हें नांव तांकां ॥२६॥ सुरवातीक ते भगताच्या खळ्यांत । उपरांत अमीनभाईच्या घरांत । आयिल्ली जंय लग्नाची वरात । रावले थंयच मुळांत वडाच्या ॥२७॥ गाडयो सुटल्यो खळ्यांत । खंडोबाच्या आंगणांत । बाबाय थंय वराती सांगातात । देंवले सगल्यां वांगडा ॥२८॥ हे बाल फकीर सकयल देंवले । भगताचे जेन्ना नदरेक पडले । ''येयात साईं'' म्हणून नमळायेन आपयले । पडलें नांव तें थंयच्यान ॥२९॥ मागीर मुखार तेन्नाच्यान । ''साई साई'' अशें म्हणून । वळख जाली त्याच नांवान । पडलें अशें नांव तांकां ॥३०॥ मागीर थंय चिलीम ओडीत । केलो राबितो मशिदींत । रमले देविदास आदींचे संगतींत । जाले खोशी भोव शिरडींत ॥३१॥ केन्ना बसका चावडेंत । केन्ना देविदासाचे संगतींत । केन्ना मारुतीच्या देवळांत । रावताले मग्न स्वच्छंद ॥३२॥ देविदास शिरडींत । बाबांच्या पयलींच्यान रावत । मागीर जानकीदास गोसावी येत । व्हड ते महात्मे शिरडींत ॥३३॥ त्या जानकीदासा सांगातान मशिदींत । बाबांनी बसचें उलयत । वा जानकीदास येवन बसत । आसताले बाबा थंयसर ॥३४॥ दोगांय मदीं व्हड प्रेम । चुकनासलो बसकांचो नेम । असो तांचे भेटीचो संगम । सूख परम सगल्यांक ॥३५॥ तशेच एक गंगागीर । नामनेचे विष्णूभक्त किर्तनकार । गृहस्थाश्रमींचे पुणतांबेकर । येताले बरेच फावटीं शिरडीक ॥३६॥ सुरवातीक बाबा बांय वयल्यान । दोनांय हातांनी मडक्यो भरून । उदक व्हरताले तें पळोवन । जाताले अजापीत गंगागीर ॥३७॥ एकदां जाली नदरेक नदर । तेन्ना उलयले गंगागीर । धन्य शिरडीचें भाग्य थोर । मेळ्ळें हें रत्न असलें ॥३८॥ आयज हो व्हरता उदक मान्य । पूण न्हय ही मुर्ती सामान्य । आसलें हे भुंयेचें व्हड पुण्य । म्हणुनूच पावली हांगा ती ॥३९॥

तशेच आनीक एक संत । आनंदनाथ नांवान किर्तीवंत । तांणीय केल्लें हेंच भाकीत । कर्तृत्व अद्‌भूत हो दाखयतलो ॥४०॥ व्हड नामनेचे आनंदनाथ । बांदलो मठ तांणी येवलें गांवांत । आयले ते एकदां शिरडींत । कांय [१]शिरडीकारां सांगातान ॥४१॥ अक्कलकोटकर म्हापुरूश । आनंदनाथ तांचे शिश्य । म्हणलें पळोवन साईंक समक्ष । ''हिरो रे हो, हिरो प्रत्यक्ष'' ॥४२॥ ''आयज जरी हो उकतडार । तरीय हो हिरो, न्हय फातर'' । आनंदनाथांचें हें उतर । भुरगेपणांतलें बाबांच्या ॥४३॥ ''मतींत धरात हें म्हजें उतर । याद जातलें तुमकां मुखार'' । अशें भविश्य सांगून मुखार । गेले परत ते येवल्याक ॥४४॥ केंस माथ्यार पुराय दवरीत । केन्नाच नासले सगले कापीत । पेलवाना असलो भेस करीत । तरणे पिरायेर श्रीसाई हे ॥४५॥ राहात्याक जेन्ना बाबा वचत । रोजां जायो जुयो हाडीत । रोयताले स्वता वसाड सुवातेंत । घालताले उदकूय नेमान ॥४६॥ वामन तात्या तांचे भक्त । कुंड्यो मडक्यो घेवन येत । उदकूय स्वता हाडून दीत । बाबा शिंपताले मागीर स्वताच ॥४७॥ खांदार दवरून बांय वयल्यान । हाडटाले उदक मडक्यांतल्यान । सांजवेळा त्यो मडक्यो व्हरून । दवरताले मुळांत निंबाच्या ॥४८॥ दवरपाचीच फुरसत थंय । वताल्यो फुटून थंयचे थंय । दुसऱ्या दिसा सकाळीं तात्याय । दिताले हाडून नव्यो तांकां ॥४९॥ मडकें जरी कितलेंय भाजलें । बाबांक तें कच्चेंच लागतालें । आव्यांत पूर्ण भाजिनासतनाच हाडटाले । कुमार तांकां विकपाक ॥५०॥

---

१. जांचे वांगडा आयले तांचीं नांवां - माधवराव बळवंत देशपांडे, दगडू भाऊ गायके, नंदराम शिवराम मारवाडी आनी भागचंद मारवाडी. सगले शिरडींत रावपी. ते येवल्याक आनंदनाथांचें दर्शन घेवन बैलगाडयेंतल्यान परत शिरडीक येवपाक येताले तेन्ना आनंदनाथ म्हाराज अचकीत येवन चलते गाडयेंत बसले आनी आपणाक शिरडीक येवपाचें आसा अशें म्हणून तांचे वांगडा शिरडीक गेले. हे आनंदनाथ मूळचे दक्षीण कोंकणांतले, म्हणल्यारूच रत्नागिरी जिल्ल्यांतले कुडाळदेशकर गौडब्राह्मण ज्ञातींतले आसून आदीं बरोच तेंप तांचो राबितो मुंबय शारांत आसलो.

तीन वर्सां हो उद्‌देग चल्लो । वसाड जाग्यार फुल्लो मळो । थंयच उपरांत वाडो बांदलो । जाता ताचो उपेग लोकांक ।।५१।। थंयच मुळांत निंबाच्या । भक्तान भाई नांवाच्या । पादुका स्वामींच्यो अक्कलकोटच्या । स्थापल्यो भक्तां खातीर ।।५२।। अक्कलकोटचे स्वामीसमर्थ । आसलें भाईचें आराध्य दैवत । नित्य नेमान ते करीत । पुजन फोट्याचें निश्ठेन ।।५३।। आयलें मनांत अक्कलकोट वच्चें । पादुकांचें दर्शन घेवचें । मनोभावान स्वता करचें । पुजन पादुकांचें श्रीसाईंच्या ।।५४।। तयारी सगली करून । सरले भायर मुंबयच्यान । पूण बेत अचकीत बदलून । धरली वाट शिरडीची ।।५५।। तेच रातीं पडलें सपन । केली आज्ञा स्वामी समर्थान । शिरडीकूय सध्या म्हजें स्थान । आसा, वच तूं थंयच ।।५६।। आज्ञेक ते वंदन करून । भाई सुटलो मुंबयच्यान । शिरडीक स म्हयने रावून । जालो खुशालभरीत पळयात ।।५७।। भाई पूर्ण निश्ठावंत । यादींत उरचो तो दृश्टांत । म्हणून त्या निंबाच्या मुळांत । केल्यो स्थापन पादुका तांणी ।।५८।। शके अठराशें चवतिसांत । श्रावण शुद्ध पर्व काळांत । पादुका स्थापल्यो निंबाच्या मुळांत । हजेरेंत भक्तांचे अनेक ।।५९।। दादा केळकरां कडल्यान । पादुका स्थापनेचो म्हूर्त करून । शास्त्रोक्त देवकृत्त्यां सयत संपूर्ण । स्थापन केल्यो स्वहातांनी ।।६०।। फुडले वेवस्थेची [१]निरवण । पुजा करीत दीक्षित ब्राह्मण । हेर वेवस्था भक्त सगूण । अशें हें आख्यान [२]पादुकांचें ।।६१।। संत अशेच हे निर्विकार । प्रत्यक्ष ईश्वरी अवतार । करपाक जगाचो उद्धार । घेतात अवतार धरतरेर ।।६२।। अशेच वतकूच कांय दीस । घडली गजाल एक अजापीत । श्रोत्यांनो ध्यान दिवन आयकात । दिसतलें अजाप तुमकांय ।।६३।। पानसुपारी विकपी भाई मोहिद्‌दीन । जावन किजील ताचे कडेन । दोगांय मर्दीं झगडें पेटून । जाली लटाफट नेटाची ।।६४।। दोगूय पेलवान कुशळ । घडपाच्या

१. जबाबदारी. २. साईलीला म्हयनाळें, वर्स ११, अंक १, पान २५ चेर ह्या पादुकां विशींची पुराय म्हायती दिल्या.

मुखार चलना बळ । मोहिद्दीन थारलो प्रबळ । हारले बाबा ताचे कडल्यान ॥६५॥ थंयच्यान मागीर निश्चेव केलो । बदल्लो आपलो भेस सगलो । कफनी ओडली लंगोट घेतलो । गुठलायलो फडको माथ्याक ॥६६॥ केलें साकाचें [1]वरासन । साकाचेंच हांतरूण । पिंजिल्लें तुटिल्लें न्हेसून । तातुंतूच मानली खोशी तांणी ॥६७॥ ''गरिबी अव्वल बादशाही । अमिरी से लाख सवाई । गरीबों का अल्ला भाई'' । म्हणटाले अशें साई अविनाशी ॥६८॥ गंगागीराचीय तीच स्थिती । कुस्ते विशींय भोव प्रिती । अशीच एकदां खेळटना कुस्ती । आयलें तांका [2]वैराग्यपण ॥६९॥ योग्य वेळ आयलो जेन्ना । सिद्ध एक उलयलो तेन्ना । ''देवा वांगडाच क्रीडा करतना । कूड ही जाय झरोवंक'' ॥७०॥ कुस्ती खेळटां खेळटां कानांत । पडलीं उतरां अनुग्रहाचीं सार्थ । संवसाराचेर उदक सोडीत । लागले परमार्थ भजनाक ॥७१॥ पुणतांबे शारा लागींच । न्हंयेच्या दोनांय प्रवाहां मदींच । बुवांचो मठ त्या जुंव्यारूच । आसात सेवेक शिश्य पसून ॥७२॥ आसूं, मुखार श्रीसाईनाथ । विचारल्यारूच दिताले जाप । आपूण जावन केन्नाच । उलय नासले कोणा वांगडा ॥७३॥ दिसाचे बसताले निंबा पोंदाक । केन्ना शिवेच्या व्हाळा देगेक । बाभळीची आडवी खांदी एक । बसताले केन्ना सावळेक तिचेय ॥७४॥ केन्ना थंयच्यान मैलाचेर । निमगांव गांवाच्या लागसार । बाबा दिसाचे दनपार तिनपार । भोंवताले वयलेवयर सहज ॥७५॥ नामनेचे त्रिंबक डेंगळे जागीरदार । निमगांवांत आसा तांचें घर । तांचे मदल्या बाबासाहेबांचेर । प्रेम व्हड श्रीसाईंचें ॥७६॥ वताले जेन्ना निमगांवाचे भोंवडेक । बाबा भेट दीत तांच्या घराक । व्हड आपलेपणान तांच्या सांगाताक । बसताले उलयत दीसभर ॥७७॥ बाबासाहेबांचो धाकलो भाव । नानासाहेब ताचें नांव । भुरगें नाशिल्ल्यान खंती भोव । आसतालो मनांत सदांच ॥७८॥ नासलो घरकान्नीक

१. श्रेश्ठ आसन. २. विरक्तपण.

योग पयले । म्हणून दुसरें लग्न केलें । तरीय ऋणानुबंध चुकनासले । करणी सगली ही देवाचीच ॥७९॥ फुडें बाबासाहेबांनी नानाक । धाडले श्रीसाईदर्शनाक । कृपाप्रसादान योग्य वेळार एक । जालें भुरगें तांगेर ॥८०॥ मुखार श्रीसाईंच्या दर्शनाक । लागली गर्दी वाडपाक । साईंचो म्हयमाय पातळपाक । लागलो चारूय दिशांनी ॥८१॥ थंय सरकार दरबारांत [१]चलन । आसलें नानांचें व्हड वजन । तशेच चिदंबर केशव म्हणून । आसले चिटणीस जिल्ल्याचे ॥८२॥ साईसमर्थांच्या दर्शनाक । येवचें घेवन पूत सुनेक । तशेंच घरच्यांक इश्टमित्रांक । धाडलें पत्र एक तांणी ॥८३॥ अशे एका फाटल्यान एक । येवंक लागले लोक शिरडीक । वाडलो बाबांचो व्हड लोकीक । भक्त परिवारूय तसोच ॥८४॥ लागनासलो जरी कोणाचो सांगात । तरीय दीसभर भक्तांचे गर्देंत । सांजवेळा उपरांत शिरडींत । न्हिदचें मशिदींत पडींग ॥८५॥ चिलीम तंबाकू [२]तांबयो । आंगांत कफनी झगो । माथ्याक फडको धवो । सटको लागीं सदांच ॥८६॥ नितळ धवोफुल्ल कपडो एक । दाव्या काना फाटल्यान [३]सुरेख । बांदताले तो तकलेक । दिवन पीळ जटे भशेन ॥८७॥ हें कपड्याचें पांगरूण । आठ आठ दीस न्हायनासतना रावून । पांयांत ना जोतें ना व्हाण । घेताले साक बसपाक ॥८८॥ पोत्याच्या एका कुडक्याचेर । सदांची बसका ताचेर । उशें कितें तें नासलें खबर । नकळो सुसेग कसलो तोय ॥८९॥ ते मेरेन तो पोरणो साक । तीच तांची आवडटी बैठक । सदां सर्वदा तिचेरूच । बसून कायम ते रावताले ॥९०॥ तीच बसका वा आसन । लंगोटी कमराक बांदून । नासलें दुसरें वस्त्र पांगरूण । शीं घालोवपाक धुनी एक ॥९१॥ दक्षीणे वटेन फुडो करून । कड्याचेर दावो हात धरून । पळयत मुखार धुनी कडेन । बसताले बाबा मशिदींत ॥९२॥ वान्सा अहंकार हांचे सयत । अनेक वृत्ती करून एकवटीत । प्रपंचवृत्तींच्यो आहुती

१. चलती. २. टमरेल. ३. सोबिवंत.

धुनींत । ओंपल्यो युक्तीप्रयुक्तीं ॥९३॥ अशा त्या प्रखर कुंडांत । ज्ञान अभिमानाची घुडी रोयत । ''अल्ला मालिक'' कायम तोंडांत । जप अखंड तोच एक ॥९४॥ मशीद तरी कसली । सुवात दोन खणां इतली । तातुंतूच न्हिदप उठप कामां सगलीं । भेटूय दिताले समेस्तांक ॥९५॥ गादयो उशीं हें तर आतां । भक्त चोमो मेळ्ळो सभोंवतां । सुरवातीक वचपाक फुड्यांत तांच्या । जायनासलें धाडस कोणाकूच ॥९६॥ एकुणीसशें बारा वर्सा । आरंभ जालो नव्या पर्वा । मशिदीच्या स्थित्यंतरा । सुरवात खरी थंयच्यान ॥९७॥ खोल खोल धोंपरभर । पडिल्लीं फोंडकुलां मशीदभर । रातयांत पडले तिजुले तांचेर । भावभक्तींतल्यान भक्तांचे ॥९८॥ रावचे आदीं मशिदींत । बाबा रावताले [1]तक्यांत । थंय बरोच तेंप सुखांत । रमले ते अबाधीत ॥९९॥ थंयच पांयांक बांदून घुंगूर । [2]खंजिरीच्या तालाचेर । बाबा नाचताले अतीसुंदर । गायतालेय म्होंवाळ सुरान ॥१००॥ सुरवातीक समर्थ साईंक । उमेद व्हड दिपोत्सव करूंक । पणट्यां खातीर तेल मागपाक । वताले स्वता पसरकारां कडेन ॥१०१॥ हातांत आपलो चिंबू धरून । तेलकारांच्या पसऱ्यांचेर वचून । फकत तेलाचीच भिक्षा मागून । भरताले हाडून पणट्यांनी ॥१०२॥ पेट्टाल्यो पणट्यो झगझगीत । देवळांत आनी मशिदींत । असो नेम हो सतत । चल्लो बरेच दीस बाबांचो ॥१०३॥ दिवे पेटोवपांत खोस उपाट । दिवाळेकूय दिपोत्सव करीत । पेटयताले दिवे मशिदींत । करून कांकाडे फाळयांचे ॥१०४॥ तेल हाडटाले सदांच फुकट । भरलें तेलकारांच्या मनांत कपट । मेळून सगल्यांनी केलो कट । पुरो कटकट आतां ही ॥१०५॥ धरून सदांच्या नेमाक । बाबा गेले तेल मागपाक । सगलेच लागले ना ना म्हणपाक । अजाप कितें घडलें पळयात ॥१०६॥ बाबा मुकाट्यांनी गेले परत । कांकाडे सुकेच दवरले पणट्यांत । तेल नासतना

१. फकिराची रावपाची सुवात. २. ल्हान डफली.

ते कितें करतात । पळोवंक लागले मजा पसरकार ॥१०७॥ मशिदीच्या चौथऱ्या वयलो । बाबांनी तांबयो उखलून घेतलो । तेलाचो तातूंत थेंबूय नासलो । पेट्टल्यो वाती कश्यो मागीर ॥१०८॥ तांबयांत त्या उदक घालून । स्वताच सोंपयलें पियेवन । अशें तें ब्रह्मार्पण करून । घेतलें उदक नव्यान ॥१०९॥ मागीर तें उदक पणट्यांनी घालून । सुक्यो वाती पूर्ण भिजोवन । तांचेर काडी मारून । दाखयले दिवे पेटोवन ॥११०॥ पेट्टना पळोवन दिवे उदकाचे । वरशे जाले दोळे पसरकारांचे । बाबां कडेन फट उलयिल्ल्याचें । दुख्ख व्हड जालें तांकां ॥१११॥ नासतना तेल थेंबभर । पेटल्यो पणट्यो रातभर । पसरकार साईंचे कृपेक अपात्र । पातळ्ळी खबर सगल्याक ॥११२॥ बाबांचो कितें हो प्रताप । दिले बाबांक फुकट ताप । घडलें आपले कडल्यान पाप । जालो पश्चाताप पसरकारांक ॥११३॥ राग तिरस्कार हो लोकांक । पडूंक नासलें ताचें बाबांक । इश्ट दुस्मान नासतात संतांक । सगले प्राणी समान तांकां ॥११४॥ आतां थोडे वचुया फाटल्यान । कुस्तेंत जिखलो मोहिद्दीन । ताचे फुडलें चरित्र महिमान । दिवन लक्ष आयकात ॥११५॥ पांचव्या वर्सा कुस्ते उपरांत । फकीर रावपी अहमदनगरांत । 'जव्हारअली' नांवाचें हें प्रस्थ । आयलें शिश्यां वांगडा राहात्याक ॥११६॥ विरभद्राच्या देवळा कडेन । सुवात एक उकती पळोवन । केलो राबितो फकिरान । आसलो तो व्हड भाग्याचो ॥११७॥ नासलो जर तो तसो । मेळटलो आसलो ताका कसो । साईं सारको इश्ट असो । कीर्त तिनूय लोकांत जाची ॥११८॥ गांवांत त्या लोक अनेक । तांचे मर्दीय मराठे कैक । तातूंतलोच भगू सदाफळ एक । जालो सेवक तो फकीराचो ॥११९॥ फकीर व्हड उच्चशिक्षीत । तोंडपाठ कुराण शरीफ असले ग्रंथ । सुवार्थी परमार्थी जावन भक्त । लागले तांच्या चरणाक ॥१२०॥ इदगा बांदूंक आरंभ केलो । असोच थोडो तेंप गेलो । वीरभद्र देवाक बाटयलो । आयलो आरोप तांचेर ॥१२१॥ मुखार इदगा बंद पडलो । फकिराकूय धांवडावन घालो ।

थंयच्यान तो शिरडीक आयलो । रावलो मशिदींत बाबां सरेन ॥१२२॥ फकीर म्हान गोड वाणी । गांव लागलो ताच्या भजनीं । बाबांचेरूय कितें केली करणी । घाली मोहिनी म्हणटाले लोक ॥१२३॥ जावपाक सांगलो शिश्य आपलो । बाबांनीय ताका हयकार दिलो । तसो फकिराक चेव चडलो । घेवन गेलो तो बाबांक ॥१२४॥ बाबां सारको शिश्य [१]सधरू । जालो जव्हारअली तांचो गुरू । मागीर दोगांय मदीं विचार सुरू । करुया म्हूण राबितो राहात्याक ॥१२५॥ गुरूक कळना युक्ती शिश्याची । शिश्य जाणटा अवकळा गुरूची । मात सदांच दवरली भावना आदराची । राखलो स्वधर्म शिश्याचो ॥१२६॥ गुरूमुखांतल्यान जें आयलें । 'योग्य अयोग्य' ना पळयलें । उतर तांचें सदांच पाळ्ळें । उदकूय भरलें गुरूघरांत ॥१२७॥ अशी चलताली गुरूसेवा जेन्ना । शिरडीकूय येवचें केन्ना केन्ना । अशें जावपाक लागलें जेन्ना । आयकात तेन्ना जालें कितें ॥१२८॥ अशें वयलेवयर जावपाक लागलें । राहात्याकूच रावपाक लागले । चडूच फकिराच्या नादाक लागले । लागली शिरडी पयस जावपाक ॥१२९॥ दिसलें लोकांक जव्हारअली । योगाच्या बळार साईंक [२]आकळी । पूण साईंची लिलाच वेगळी । अभिमान जाळी कुडीचो ॥१३०॥ साईंक खंयचो आसतलो अभिमान । श्रोते सहज करतले अनुमान । हें लोकां खातीर आचरण । अवतार कार्याचो हेत तोच ॥१३१॥ शिरडींत बाबांचे प्रेमी भक्त । बाबां विशीं भोव आसक्त । बाबा नासतना शिरडींत । रावप जिवार आयलें तांच्या ॥१३२॥ साई फकिराक वश पुरायेन । निरशेले ग्रामस्थ तें पळोवन । कशे हाडचे तांकां परतून । पडले सगले विचारांत ॥१३३॥ जशें भांगर आनी कात । जसो दिवो आनी वात । तशेच गुरू-शिश्य आसतात । प्रेम एकामेकांचें दोगांकूय ॥१३४॥ मागीर शिरडीचे भक्त जमून । गेले राहात्याक इदग्या कडेन । पळोवचे म्हणून यत्न

१. बळिश्ट. २. वश करप.

करून । मन घुंवडावपाक बाबांचें ॥१३५॥ बाबा तांकां भलतेंच सांगीत । म्हणीत ''फकीर तो भोव रागीट । वाटेक ताचे वचूं नाकात । पातयेना म्हाका तो केन्नाच ॥१३६॥ वचात तुमी हांगाच्यान । येतलो आतांच गांवांतल्यान । करतलो तुमचें निसंतान । महारागीट आसा तो ॥१३७॥ राग ताचो भोव आगळो । इंगळ्या भशेन जातलो तांबडो । आयकात तुमी म्हजो सल्लो । लागात वाटेक शिरडीचे'' ॥१३८॥ आतां फुडें करचें कितें । बाबान तर सांगलें भलतें । पावलो फकीर उलयतनाच ते । लागलो तांकां विचारूंक ॥१३९॥ ''आयल्यात व्हय बाबां पासत । भितरले भितर कितें उलयतात । शिरडीक परत व्हरूंक सोदतात । पूण ते भानगडीक पडूं नाकात'' ॥१४०॥ अशें जरी ताणें आदीं म्हणलें । लोकांच्या मनांतलें ताकाय कळ्ळें । आपणाकूय व्हरात ताणें सांगलें । जर व्हरूंक सोदतात बाबांक ॥१४१॥ आसूं, फकीर वांगडा आयलो । ताकाय बाबांक सोडपाचो नासलो । बाबांकूय तो जाय आसलो । कळ्ळेंना हें गुपीत कोणाकूच ॥१४२॥ साई परब्रह्म पुतळो । जव्हारअली भ्रमाचो भोपळो । देविदासान कसाक लायलो । फुटलो भोपळो शिरडींत ॥१४३॥ देविदास आंगलटीन सुंदर । दोळे ओडलायणे रूप मनोहर । धा-इकरा वर्सांची [1]उमर । आयिल्लो तेन्ना शिरडींत ॥१४४॥ इतले ल्हान पिरायेंत । कमराक लंगोटी फकत । थंयच्या मारुतीच्या देवळांत । आयलो तो गोंसाय ॥१४५॥ आप्पा भिल्ल म्हाळसापती सतत । ताचे सरेन येत वचत । काशीराम आनी हेर खावंक दीत । वाडलें व्हडपण ताचें भोव ॥१४६॥ वराडा वांगडा बाबा आयिल्ले । तांचे बारा वर्सां आदींच पाविल्ले । देविदास येवन राविल्ले । केल्लो राबितो शिरडींत ॥१४७॥ आप्पा भिल्ल पाटयेर शिकयत । व्यंकटेशस्तोत्र वाचून घेत । सगल्यांक तोंडपाठ करूंक सांगीत । घेताले वर्ग नेमान ॥१४८॥ देविदास महाज्ञानी ।

---

१. पिराय.

गुरूत्व घेतलें [१]तात्याबांनी । काशिनाथ आनी हेर शिश्यांमदीं [२]अग्रणीं । लागले तांच्या चरणांक ॥१४९॥ तांचे मुखार तो फकीर हाडलो । शास्त्रीय वादविवाद मांडलो । वैराग्यान फकिराक जिखलो । घालो धांवडावन थंयच्यान ॥१५०॥ मागीर तो जो थंयच्यान सटकलो । वैजापूरांत वचून रावलो । उपरांत बऱ्याच वर्सांनी आयलो । केलो नमस्कार श्रीसाईंक ॥१५१॥ आपूण गुरू साई [३]चेलो । भ्रम हो ताचो पुराय सोंपलो । बाबांनूय आदले वरीच मान दिलो । जालो निवळ पश्चातापान ॥१५२॥ असो बाबांचो प्रताप आगळो । निवाडो जावपाचो तेन्ना जालो । तरीय ताका गुरूचोच मान दिलो । दवरून श्रद्धा आदले वरीच ॥१५३॥ ताका ताचें गुरूपण । आपणाक आपलें शिश्यपण । हो तरी एक उपदेश जाण । हाडलो आचरणांत स्वता श्रीसाईन ॥१५४॥ आपूण कोणाचो जावन रावचो । वा कोणाक तरी आपलो करचो । हाचे सारको दुसरो नासचो । ताणें देंवचें न्हय [४]परपार ॥१५५॥ हीच एक शिकवण ह्या वागण्याक । पूण कुस्तार असो धाडशी मेळपाक । रावतलो ठाम मनाच्या निश्चेवाक । नम्र तोच चडटलो गडार ॥१५६॥ हांगा स्वबुद्दीपरिकल्पीत । चड हुशारी ना उपकारा येत । जाच्या मनांत सादचें स्वहीत । अभिमान सोडून वागचें ताणें ॥१५७॥ जाणें कुडीचो अभिमान लासलो । ताचोच देह सार्थकीं लागलो । तो मागीर कोणाचोय जातलो चेलो । साध्य करूंक परमार्थ ॥१५८॥ [५]निर्विशय ती स्थिती पळोवन । अजापले मनांत सगले जाण । सोबीत मुर्ती पिराय ल्हान । करताले कवतूक लोक सगले ॥१५९॥ ज्ञानियांचो देहवेपार । जाता आदल्या कर्मा [६]नुसार । तांकां ना प्रारब्ध–कर्मभार । नकळो [७]कर्मकर्तार जावपाक ॥१६०॥ जरी सुर्याक काळखांत [८]रिगाव । तरीच ज्ञानियाक द्वैतभाव । स्वस्वरुपूच जाका पुराय विश्व । बसतकूच भाव अद्वैत ॥१६१॥ वागणें हें गुरूशिश्याचें ।

१. तात्या गणपत पाटील कोते. २. श्रेश्ठ. ३. शिश्य. ४. पलतडी. ५. कसलीच वान्सा नाशिल्ली. ६. प्रमाण. ७. नशीब घडोवपी. ८. रीग.

परमभक्त श्रीसाईनाथांचे । म्हाळसापतींनी सांगूंक लायलें जशें । तशेंच सांगलें पुरायेन ।।१६२।। आसूं आतां हें आख्यान । फुडलें चरित्र आनीकूय गहन । जातलें योग्य वेळार कथन । रावात तयार आयकुपाक ।।१६३।। मशीद आदीं आसली कशी । कितल्या कश्टांनी घाली [1]फरशी । साई हिंदू काय मुसलमान वंशी । नकळो सांगपाक कोणूच खात्रेन ।।१६४।। धोती पोती खंडयोग । करताले भोगताले भक्तांचे भोग । हें सगलें निवेदन [2]यथासांग । जातलें कल्याण सगल्यांचें ।।१६५।। हेमाड साईंक शरण । चरणप्रसाद हें कथा निरुपण । आयकल्यार जातलें पाप निवारण । कथा ही भोव पुण्यपावन ।।१६६।। संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । 'श्रीसाई–पुनप्रकटी भवनं' नांवाचो हो पांचवो अध्याय सोंपता हांगाच ।।

।। श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ।। शुभं भवतु ।।

❍ ❍ ❍

१. तिजुले. २. पुरायेन, कसलोच उणाव दवरिनासतना.